# दाबोळी विमानतळाचे आधुनिकीकरण करतले-श्री. प्रभू

ता.16 एप्रिल 2018
26 चैत्र 1940

विमानातल्यान गोंयात येवपी लोकांक आनी खास करून पर्यटकांक दाबोळी विमानतळांचेर बरी सेवा दिवपाखातीर टर्मीनलांचो विस्तार, मल्टिलेयर पार्किंग आनी हेर सुविधा उपलब्ध करून विमानतळाचे आधुनिकीकरण करपाचो प्रस्ताव आशिल्याचे नागरी उड्डानमंत्री श्री. सुरेश प्रभू हांणी आयज दाबोळी विमानतळ भेटी वेळार सांगले.

गोंय हे संवसारातले एक म्हत्वाचे पर्यटन स्थळ आसून दर वर्सा देश-विदेशातले लाखांनी पर्यटक गोंयात भेट दितात. पर्यटकांक आकर्शीत करपाक गोंयाची खास अशी वळख आसा आनी हे खाशेलपण राखून दवरपाक जाय, अशें तांणी सांगले.

नागरी उड्डानाच्या मळार आवश्यक मनुश्यबळ उपलब्ध करपाखातीर मंत्रालयान कुशळताय विकास कार्यक्रम सुरू केला, अशेंय तांणी सांगले. श्री. सुरेश प्रभू हांणी दाबोळी विमानतळावयल्या टॅक्सी चालकांच्या मागण्यात लक्ष घालपाचे उतर दिवन विमानतळार थळाव्या टॅक्सीक चड संदी दिवपाखातीर गोंय पर्यटन खात्यावतीन अतिरिक्त काऊंटर चलोवपात येतलो आनी त्याखातीर विमानतळ प्राधिकरण आनी गोंय सरकारामदी करार जातलो. ह्या काऊंटराचेर गोंयची हस्तकला, कारागिरी आनी हेर वस्तू आनी उत्पादन विक्री दालन आसतले अशेंय सांगले.